# विनयाक खेडेकर आनी कांता गावडे हांका डॉ. कोमल कोठारी स्मृती लोककला पुरस्कार भेटयले

**ता. 26 मार्च 2021**

पश्चिम विभाग सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर हांणी नामनेचे कलाकार पद्‌मश्री विनायक विष्णू खेडेकर आनी श्री. कांता काशिनाथ गावडे हांका साहित्य, लोककथा आनी नृत्य हया क्षेत्रातल्या योगदानाखातीर डॉ. कोमल कोठारी स्मृती (लाइफ टाइम अचिव्हमेंट) लोक कला पुरस्कार भेटयले.

शाल, श्रीफळ, प्रमाणपत्र आनी रोख एक लाख पंचवीस हजार रुपया अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

डॉ. कोमल कोठारी हे राजस्थान राज्यातले संगीत, नृत्य आनी नाटकातले तज्ञ आशिल्ले. वर्स २०२० -२०21 चे पुरस्कार राजस्थानचे राज्यपाल श्रीं कलराज मिश्रा यांच्या हस्तुकीं जयपूर राज्यस्थान हांगा जाल्ल्या खास सुवाळ्यात प्रदान करपात आयले.

पद्‌मश्री खेडेकर हांणी गोंयच्या लोककथांचेर वेगळी वेगळी पुस्तकां बरयल्यात आनी लोककथांचेर विविध पेपर्सय सादर केल्यात. श्री. कांता गावडे हे गोंयातलें लोकनाट्‌य कलाकार आसात. तांणी राज्याभायर आनी परदेशात विविध कार्यक्रम सादर केल्ले आसात.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी पुरस्कार जैतवंतांचे अभिनंदन केला. कला आनी संस्कृती संचालनालयानय कलाकारांचे अभिनंदन केला. तशेंच पश्चिम विभाग सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर हांचे आभार मानल्यात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/359--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji